# <u>विधानसभा अधिवेशन काळांत जमाव बंदी</u>

ता. 11 जानेवारी 2023

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान राज्य विधानसभा अधिवेशन सत्र काळांत पर्वरीच्या विधानसभा प्रकल्पा सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या क्षेत्रांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं, तरसादीं, भालें वा सुऱ्या सारखी शस्त्रां लागीं बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या.

कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंतविधी वा खंयचोय खास प्रसंग वा जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांच्या मताप्रमाण विश्वसनीय प्रसंग जाका संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी वा उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यांकडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना.

हो आदेश ता. 16 जानेवारी 2023 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर लागू जातलो आनी विधानसभा अधिवेशन सत्र सोपमेरेन लागू उरतलो.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/49

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.